# मनोरूग्ण आनी आत्महत्येच्या प्रकरणांची बातमी दितना माध्यमांनी पीसीआय मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवपाचो सल्लो

ता. 5 फेब्रुवारी 2026

उच्च शिक्षण संचालनालयान मानसिक दुयेंस/आत्महत्येच्या प्रकरणांची बातमी दितना माध्यमांनी पीसीआय मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवपाचो सल्लो दिला. मानसिक दुयेंसा संबंदीत बातम्यांचे प्रकाशन/रिपोर्टिंग करपा विशी मानसिक भलायकी सेवा कायदो 2017 च्या कलम 24 (1) प्रमाण मंडळान "माध्यमांनी मानसिक दुयेंस आशिल्ल्या व्यक्तीच्या संमती बगर मानसिक भलायकी संस्थेत उपचार घेवपी व्यक्तीचे छायाचित्र वा हेर कसलीय म्हायती प्रकाशीत करची न्हय" हो नियम स्वीकारला.

संवसारीक भलायकी संघटनेच्या आत्महत्या आडावप: मीडिया वेवसायिकां खातीर एक संसाधन – 2017, च्या अहवालाक अनुसरून मंडळान मार्गदर्शक तत्वां स्वीकारिल्ली आसून वृत्तपत्रां आनी वृत्तसंस्थांनी आत्महत्या प्रकरणांचे रिपोर्टिंग करतना आत्महत्ये विशीच्यो बातम्यो चड करून प्रकाशीत करच्यो न्हय आनी अशो बातम्यो गरज नासतना परत परत प्रकाशीत करच्यो न्हय, आत्महत्येक खळबळजनक करपी भाशेचो वापर करचो न्हय वा समस्यांचेर उपाय म्हूण ती सादर करची न्हय. आत्महत्येक वापरिल्ली पद्धत, सुवातेचो तपशील, खळबळजनक माथाळो, छायाचित्रां, व्हिडिओ फुटेज वा सोशल मीडिया लिंक्स वापर टाळचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/102

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.